2025 II 25 | 0930 | Seat No. [ ]

Time : 3 Hours

KONKANI LANGUAGE II

Subject Code

H 4 4 2 2

Total No. of Questions : 37 (Printed Pages : 8) Maximum Marks : 80

**सुचोवण्यो :** (*i*) दरेका विभागाची जाप नव्या पानाचेर सुरू करची.

(*ii*) प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

(*v*) प्रस्न क्रमांक **6, 7, 8, 9, 10, 11, 15** आनी **27** ह्या प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

## विभाग—अ

## (पाठ आनी कविता)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात :

1. पुरुषोत्तम काकोडकारांनी 18 जुनाचे चळवळिविशीं गोंयकारांक कशें सुचीत केलें ? 1

2. दोतोर अरुणान कसले प्लॅन केल्ले ? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत् दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात :

3. नाचता तालार ल्हारार ल्हारा 2

जुवारेचीं ..............................

वाजता सुरान एकतान

मांडवींची ..............................

(पांयजेलां, मांदोलिनां, डंबेलां, पांयजणां)

4. म्हज्या कुंडयांनी

हांवें थोडीं ...................... रोयलीं

कांय झाडांचीं ............................

कुंड्यां भितर रावंक शिकलीं.

(पाळां, रोपां, मुळां, झाडां) 2

5. सकयल दिल्ल्यो जोड्यो जुळोवन परत बरयात : 3

| 'अ' | 'ब' |
|---|---|
| (*i*) सान जालो म्हान : डॉ. अब्दुल कलाम | • डॉ. तानाजी हळर्णकार |
| (*ii*) स्त्रम महात्म्य | • श्री भूषण भावे |
| (*iii*) सैमाकडेन इश्टागत | • श्रीमती लक्ष्मी वा. मोये |
| | • श्री रवीन्द्र केळेकार |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयात :

6. 'हाड चेडवा बुडकुलो' हे कवितेंत मोगीन आपल्या लग्ना संबंदान मांडिल्ले विचार तुमच्या उतरांनी बरयात. 3

वा

'एक हावेस' कवितेंतल्या कवीक समाजाखातीर किर्ते करपाचें आसा ?

7. धायदिकांनी मस्ती ओतीत येवपी होळयेची परब लोक कशें तरेन मनयतात ? 3

वा

'सगळें आतां इतिहासजमा' कवितेंत शेजारधर्म इतिहासजमा जालां अशें कवयित्री कित्याक म्हणटा ?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयात :

8. शिंयाळया दिसांतल्या दिपकावणेचें वर्णन लेखकान कशें केलां ? 4

वा

'पांच पांकळयांचे फूल मेळटा तो भाग्यवंत' अशें भानुदास कित्याक म्हणटा ?

9. ल्हान भुरग्यान अर्द फुटकें ताट आरमारींत सांबाळून दवरपाफाटलें कारण कितें आशिल्लें ? 4

वा

कारवारच्या सांते बाजाराचीं खाशेलपणां सांगात.

सकयल दिल्ल्या पद्यांशाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात :

10. माजार बसलां हुमरो राखीत

गोठयां म्हसरां हांबे हांबे

भुरकटून नाचता लापीट. 4

वा

मतिंत मृदंगा भोंवर आंगां

हंसाळ चांफी उतरा उतरा

रंगा, गंधा, नादां अवसर

तन्यो तन्यो तरण्या पारा

सकयल दिल्ल्या विधानाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात :

11. 'पेज वाड तू म्हाका. वाड म्हणल्यार वाड.' 5

वा

पांडवांक अर्दे राज्य नाका. पांचूच गांव मेळ्ळयार तांकां समाधान आसा.

## विभाग—ब

### (व्याकरण)

सकयल दिल्लीं वाक्यां कंवसांत सुचयिल्लेप्रमाण बदलून बरयात :

12. मनशान केन्नाच निराशावादी आसचें न्हय. 1

(हयकारी करात)

13. अर्ज (बरोवप) दुसरी एक पद्धत आसा. (कंवसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात). 1

14. एक नवी नदर घेवन हांव परतलों. (वर्तमानकाळांत बरयात). 1

15. ह्या कामाखातीर शिक्षकाबगर आनी कोण आदर्श व्यक्ती आसत ? 1

(न्हयकारी करात)

वा

केन्ना दाळी रोस करशी ? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात :

16. भारत शिमेवयल्या जवानांचें धाडस पळोवन <u>ल्हंव फुलून येता.</u> 1

17. तरणाटे भुरगे रस्त्यावयल्यान वतना हातांत मोबायल वापरून बेसावध रावतात. 1

(आंग चोरप, कांटो फुलून येवप, अमाळो येवप, घाळ रावप)

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात :

18. सामान्य × 1

19. शिस्त × 1

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं विशेशणां करात :

20. संस्कार 1

21. पिडा 1

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं भावनामां करात :

22. जाण्टो 1

23. गंभीर 1

24. फिशाल 1

सकयल दिल्ल्या ओपारिंचे अर्थ बरयात :

25. देव दिता देंवचार नाडटा 1

26. ते पदेर गेले ते उंडे गेले 1

27. आंवाळो दिवन कुंवाळो काडप 1

वा

मेल्लें मडें उज्याक भियेना

28. सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदाचें फावो तें रूप रित्या सुवातिंनी घालून उतारो पुराय करात : 4

मूर्तीकार मूर्त ..................... ती सोबीत दिसची म्हूण तो आपली सगळी हिकमत आनी कुशलताय ..................... जेन्ना ते मुर्तीचेर तरेतरेचे रंग ..................... तेन्ना ती मूर्ती चड उठावदार .....................

(चडोवप, घडोवप, मोडप, वापरप, दिसप, खणप)

## विभाग—क

### (रचना)

29. 'आमचे जिर्णेत योगाचें म्हत्व' ह्या विशयाचेर दोगां इश्ट/इश्टिणीमर्दी जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात : 5

30. लोकमान्य उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या 'स्नेहसंमेलन' (Annual Day) कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका (आपोवणें) तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचेर विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात :

ल्हान आसतना आवय आमकां शिकयता. सकाळीं उठ्ठकच दांत घांस, तोंड धूय,

जेवचे पयलीं हात धूय आनी जेवतकच आंवतना हात, तोंड सारकें बरें धूय.

आवय ही शिकवण आमकां ल्हानपणांत दिता आनी आमी तशे वागतात.

पूण दर दिसा आवय आमकां हें सांगता व्हय ?

व्हड जातकच दर दिसा ही याद करपाक आवय आमचेसरीं आसता व्हय ?

ना! तरी आमी दांत घांसतात. तोंड धुयतात. हें अशें कित्याक जाता ?

आमी आवयन शिकयिल्लें, देख दिल्ले बरे संवयेचें आंतरिकीकरण करतात.

एकदां सांगिल्ली वा पळयिल्ली गजाल एकदां केली; दोनदा केली; चारदां केली;

खूब फावटीं केली म्हण्टकच ल्हवू ल्हवू ताची 'संवय' जाता.

आनी संस्कार म्हणल्यार दुसरें तिसरें कांयच न्हय. आमच्या आंगांत आमी पचयिल्ल्यो, केळयिल्ल्यो बऱ्यो संवंयो.

**प्रश्न :**

31. ल्हान आसतना आवय आमकां किर्ते शिकयता ? 1

32. लेखकाच्या मताप्रमाण मनशाक 'संवय' कशेतरेन लागू जाता ? 1

33. वयर दिल्ल्या उता-यांत 'वायट' हया उतराचें खंयचें उरफाटें उतर आयलां ? 1

34. ह्या उता-यांत खंयच्या 'संवयीक' संस्कार म्हळा ? 1

35. उता-याक फावोसो योग्य माथाळो दियात. 1

—दत्ता दामोदर नायक

36. सकयल दिल्ली जायरात वाचून जॉयसी डायस/जॉय डायस, घर क्र. 150, वडामळ-सावर्डे, गोंय सावन सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

> गरज आसा
>
> ग्रंथपाल (Librarian)
>
> शिक्षणीक पात्रताय : 1. बी. ए.
>
> 2. ग्रंथपालाची पदवी
>
> 3. संगणकाचें प्रमाणपत्र
>
> 4. कोंकणी भाशेचें गिन्यान.
>
> अणभव—उण्यांत उणे 1 वर्स
>
> पुराय म्हायतीसयत अर्ज करात.
>
> संपर्क : प्राचार्य
>
> सेंट अॅलेक्स उच्च माध्यमीक विद्यालय
>
> हरमल-पेडणें
>
> गोंय.

37. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात : 8

- हांव शेत उलयतां.......
- हांव शिक्षक जालों जाल्यार......
- दर्यावेळेर एक वर
- भारताच्या फुडाराविर्शी म्हजें सपन.